# प्रादेशीक खबरो 27 ऑगस्ट 2026 7.20 वरां.

## मुखेल खबरो

मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद  सावंत  हांणी आयज अर्थिक उदरगत मंडळाच्या  बसकेचें अध्यक्षपद सांबाळळे. हे बसकेंत  मुदतीच्या रिणांक मंजुरी दिवपा सयत जायते मुखेल धोरणात्मक आनी अर्थीक निर्णय घेतले.

केंद्रीय ऊर्जा ,  नवीन आनी नवीकरणीय ऊर्जा राज्यमंत्री  श्रीपाद नायक  हांणी राज्यसभा खासदार सदानंद  शेट तानावडे हांच्या  वांगडा म्हापशेच्या सेंट  झेवियर्स म्हाविद्यालयांत   आयोजीत 'खेलो इंडिया' संवाद कार्यावळींत वांटो घेतलो.

गोंयच्या आप मजत गटां वरवीं    बांयला  वेगवेगळया मळार काम करुन अर्थिक रितीन सक्षम जाल्यांत. तांची देख महाराश्ट्र ,उत्तर प्रदेश तशेंच हेर राज्यांनी घेवपा सारखी आसा अशे मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी म्हणलां.

नुस्तेमार खात्याचे मंत्री नीळकंठ हळर्णकार हांणी  नारळी पुनवे निमतान बेतींतल्या मालिम जेटीचेर  नाल्ल अर्पण केलो.

मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद  सावंत  हांणी आयज अर्थिक उदरगत मंडळ म्हणजेच ईडीसी लिमिटेडच्या चारशें णवव्या मंडळाचे बसकेचें अध्यक्षपद सांबाळळे. हे बसकेंत  मुदतीच्या रिणांक मंजुरी दिवपा सयत जायते मुखेल धोरणात्मक आनी अर्थीक निर्णय घेतले.

मंडळान अर्थिक वर्स 2025-26 वर्साच्या सुमार 128 कोटी रूपया येणावळ आनी सुमार एकोण सत्तर रूपया कोटी फायदो मेळून एकठांय अर्थीक वेव्हाराक मान्यताय दिली. गोंयची उद्देगीक वेवस्था  घटमूट केल्ले खातीर ईडीसी पंगडाची आनी अधिकाऱ्यांच्या सेगीत यत्नांची मुखेलमंत्र्यांनीं तोखणाय केली.

तशेंच मुखेलमंत्र्यांनीं हालींच दुरुस्त केल्ल्या मुखेलमंत्री सुधारीत व्याज सवलतीचे येवजणेचोय नियाळ घेतलो. हे येवजणे वरवीं सौर प्रकल्पां खातीर अतिरिक्त 5% सवलत आनी वर्किंग कॅपिटल टर्म रिण येवजणे खाला रिणां खातीर  15 लाख  रूपयां मेरेन अतिरिक्त सवलतीचो आस्पाव आसा.

CMRY येवजणें वरवीं रिणां घेवप्यां खातीर 'इझी एक्झिट स्कीम' (Easy Exit Scheme) अपेस आयिल्ल्या वेवसायांतल्या पात्र उद्योजकांक आनीक आधार दितलो.    हे येवजणें अंतर्गत  लागू आशिल्लें  व्याज माफ करून  रक्कम दोन वर्सांच्या काळांत परत करपाची सुविधा दितले.

केंद्रीय ऊर्जा ,  नवीन आनी नवीकरणीय ऊर्जा राज्यमंत्री  श्रीपाद नायक  हांणी राज्यसभा खासदार सदानंद   शेट तानावडे हांच्या   वांगडा म्हापशेच्या सेंट   झेवियर्स म्हाविद्यालयात आयोजीत 'खेलो इंडिया' संवाद कार्यावळींत वांटो घेतलो.

प्रधानमंत्री  नरेंद्र मोदी हांणी सेंट झेवियर्स महाविद्यालयाच्या विद्यार्थ्यां कडेन व्हर्च्युअल पद्धतीन संवाद  साधलो  आनी  तांकां आपल्या  जीणेंत फिटनेस आनी खेळाचो स्वीकार  करपा  खातीर प्रेरित केले.

ह्या संवादात निरोगी जीणेशैली, सकारात्मक इश्टवर्ग आनी खेळाच्या माध्यमातल्यान व्यसन मुक्त समाज निर्माण करपाच्या गरजेचेर मार्गदर्शन केले.

श्रीपाद नायक हांणी सेंट झेवियर्स महाविद्यालयाच्या खेळगड्यांचो सन्मान करून तांच्या खेळांतली गुणवत्ता आनी उत्कृश्ट कामगिरीची तोखणाय केली.

**ह्या वेळार केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नायक हांणी सांगलें. –**

राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी विद्यार्थ्यांक तंदुरुस्तीक आपल्या

दिसपट्टे जीणेचो अविभाज्य भाग करपाचे आवाहन केले. **खासदार तानावडे हांणी मुखार सांगलें.**

गोंयच्या आप मजत गटां वरवीं बांयला वेगवेगळया मळार काम करुन अर्थिक रितीन सक्षम जाल्यांत. गोंयच्या आप मजत गटांची देख महाराश्ट्र ,उत्तर प्रदेश तशेंच हेर राज्यांनी घेवपा सारखी आसा अशे मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी म्हणलां.

गांवगिऱ्या वाठारांची उदरगत करपाक बायलांचो आनी शेतकारांचो व्हड वांटो आसा अशे तांणी सांगलें. गोंयच्या शेतकी मळाक घटमुट करपाक बायलांनीं ग्रामीण उदरगत यंत्रणे वरवीं व्हड योगदान दिला. शेता शिवाय हेर मळांचे लेगीत गोंयच्या बायलांनी महत्वाचे योगदान दिल्ल्याचें मुखेलमंत्र्यानीं म्हळें. .

ते केंद्रिय ग्रामीण उदरगत मंत्रालयान , दिनदयाळ अंत्योदय येवजण आनी राष्ट्रीय ग्रामीण उदरनिर्वाह मिशनच्या जोडपालवान आयोजित केल्ल्या चवथ्या(4th) National Supportive Supervision Framework च्या विभागिय कार्यशाळेच्या समारोप सुवाळ्यांत उलयताले.

मुखेलमंत्री डॉ सावंत हांणी मुखार सांगलें.

देश पावंड्यार पळयत जाल्यार राज्य ग्रामीण उदरनिर्वाह मिशन आनी गोंयातले आप मजत गटाचे काम हेर राज्यांच्या तुळेंत खुब्ब मुखार आसा अशे केंद्रिय ग्रामीण उदरगत मंत्रालयाची उपसचिव मोनिका बुट्ट्गुरु हिणे म्हळां.

दिव्यांगजन सशक्तीकरण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी आयज पर्वरीच्या नव्या बाजाराच्या संकुलांतल्या 'बी' इमारतीच्या तिसऱ्या मजल्यार आशिल्ल्या गोंय सरकाराच्या 'दिव्यांगजन सक्षमीकरण विभागा'च्या नूतनीकरण केल्ल्या आनी दिव्यांग-स्नेही कार्यालयाचें उक्तावण केलें.

नुस्तेमार खात्याचे मंत्री नीळकंठ हळर्णकार हांणी नारळी पुनवे निमतान बेतींतल्या मालिम जेटीचेर नाल्ल अर्पण केलो. नुस्तेमारी खात्यान नुस्तेमारी हंगामाक सुरवात जावपी पारंपारीक उत्सवाचो एक भाग म्हूण हो विधी दरवर्सा आयोजीत करतात.

गोंयांत दर पावसाच्या हंगामात १ जून ते ३१ जुलय ह्या काळांत नुस्तेमारीक बंदी आसता. ह्या काळांत यांत्रिकी बोटीतल्यान ,ट्रोलीतल्यान नुस्तेमारी करपाक बंदी आसता. नुस्त्याच्या प्रजननाच्या काळांत तांच्या जतनुकी खातीर ही बंदी नुस्तेमारी खातें लागु करता. नारळी पुनवे दीसा दर्याक नाल्ल अर्पण केल्या उपरांत गोंयात नुस्तेमारी सुरू जाता.

नेपाळांत आयिल्ल्या हुंवाराच्या घडणुकेच्या फांटभुयेर  कितलेशे लोक बेपत्ता जाल्ल्यात वा तांकां संपर्क जावंक ना अशें कळटा. ह्या फांटभुयेर गोंय प्रशासनान कोणूय मनीस बेपत्ता जाला जाल्यार ताची म्हायती बेगोबेग गोंय प्रशासनाच्या कार्यालयांक कळीत करात अशें आवाहन  गोंय प्रशासनान केलां.

म्हायतींत संबंधित व्यक्तीचें नांव, संपर्क क्रमांक आनी हेर म्हायती, तशेंच उपलब्ध आसल्यार ताच्या घरच्यांचो वा संपर्क करपाच्या व्यक्तींची म्हायती दीवची अशें जिल्होधिकाऱ्याच्या कार्यालयान म्हळां.

ही म्हायती पोलीस स्टेशनात वा हेल्पलाईनांचेर दीवपाक शकता: हे खातीर  - जिल्हो नियंत्रण कक्ष: 0832-2225383

- - PCR, उत्तर गोंय क्रमांक  7875756117 ,

- आपत्कालीन हेल्पलायन क्रमांक 112

हाचेर संपर्क करचो अशें कळीत केलां.

लोकांकडेन मेळपी म्हायती एकठांय करून ती विदेश वेव्हार मंत्रालयाक धाडटले. ह्या माध्यमांतल्यान संबंधित व्यक्तीं सोदपाक आनी तांच्या कुटुंबियांक तांचेकडेन संपर्क साधपाक मदत जावची, हो हेत आसा.

उत्तर गोंय माय भारत, हांणी सरकारी कला, विज्ञान आनी वाणिज्य महाविद्यालय, सांखळी हांच्या जोडपालवान आयज "खेलो इंडिया संवाद:खेल की बात, प्रधानमंत्री मोदी के साथ  ही कार्यावळ आयोजित केल्ली. ह्या कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हुण मुखेलमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हजीर आशिल्ले.

तरणाट्यांनी खेळाकडे  वेवसाय म्हुण पळयता आसतानांच खेळांचे बाबतींत जाग्रुक आसपाक जाय अशें ह्या वेळार उलयताना मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.  शिस्त, तंदुरुस्ती, नेतृत्वगुण आनी सांघिक भावना निर्माण करपांत खेळांचो परिवर्तनकारी वांटो महत्वाचो आसा अशें मुखेलमंत्री  सावंत हाणीं म्हळें. तशेंच विकसित भारत 2047 ह्या संकल्पनेक साकार करपाखातीर तरणाट्यांनी सक्रिय योगदान दिवपाचें आवाहन ताणीं केलें.

खेलो इंडीया ही फकत खेळगडे घडोवपी मोहिम न्ही जाल्यार ती भारताची सशक्त पीढी घडोवपी महत्वाचें पावल अशें मत पर्वरीच्या विद्या प्रबोधीनी उच्च माध्यमिक विद्यालयाच्या विद्यार्थ्यांनी व्यक्त केला.

खेलो इंडीया खातीर खेळा मळावेली बरी साधन सुविधा,खेळाचे प्रशिक्षण दीवपी बरे प्रशिक्षित प्रशिक्षक मेळल्यात अशे  sport  icon दुर्वा साळगांवकार हांणी म्हणला. **दुर्वा साळगांवकार हांणी मुखार सांगलें.** *(byte : Durva salgaonkar)*